# माननीय सभापतीचें समारोपाचे उलोवप

## ता. २७/३/२०१५

माननीय सदस्य,

१. ई– विधानसभेची संकल्पना दोळ्यामुखार दवरून जाल्ले पांच दिसांचे, १८ वरांच्या कालावधीन संपन्न जाल्ल्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो समारोप आयज आमी करतात.

२. ता. २३ मार्च, २०१५, ह्या दिसा गोंय राज्याचे माननीय राज्यपालांच्या अभिभाषणान ह्या आधिवेशनाची सुरूवात जाल्ली. ह्या उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाषणाची प्रत सभागृहाच्या पटलाचेर दवरली. माननीय राज्यपालांच्या अभिभाषणाखातीर डॉ.प्रमोद सावंत हाणी तांचे आभार मानपी प्रस्ताव मांडलो, जाका श्री. गणेश गांवकर हाणी अनुमोदन दिले. दिनांक २४ ते २६ मार्च, २०१५ दिसामेरेन २३ दुरूस्त्या सयत आभारदर्शक प्रस्तावाचेर चर्चा जाली. ताच्या उपरांत माननीय मुख्यमंत्र्यानी चर्चेक जाप दिली. ह्या प्रस्तावाक सादर केल्ल्यो दुरूस्त्यों मतदानाक घातल्यो आनी त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो आनी उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाषणावयलो आभारदर्शक प्रस्ताव सभागृहान दि. २६ मार्च, २०१५ ह्या दिसा संमत केलो.

३. ह्या अधिवेशनान ३४ शोक निर्देशक सुचना आनी ६ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयले, ते सभागृहान एकमतान संमत केले

४. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान ५९ कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ८ लक्षवेधी सुचना आनी २२ शुन्यकालाचे उल्लेख ह्या अधिवेशनान आयले.

५. कामकाम सल्लागार समितीचो प्रथम अहवाल(२०१५) सभागृहा मुखार मांडून संमत केलो.

६. २५ मार्च २०१५, ह्या दिसा माननीय मुख्यमंत्र्यान वर्स २०१५-२०१६ खातीर गोंय राज्याचो अर्थसंकल्प विधानसभेन सादर केलो.

७. अनुदानित पुरवणी मागण्यो २०१४-२०१५ (दुसरो गट) सभागृहा मुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताच्याच अनुषंगान गोवा विनियोग विधेयक, २०१५ मांडून, विचार करून सभागृहान संमत केले.

८. २०१५-२०१६, ह्या वर्साखातीर लेखानुदान सभागृहामुखार सादर करून, चर्चा जावन आनी मतदानाक घालून संमत केले. हाका जोडून गोवा विनियोग (लेखानुदान) विधेयक, २०१५ सादर केले आनी सभागृहान ते संमत केले.

९. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, २१३ तारांकित आनी ५२८ अतारांकित अशी एकूण ७४१ प्रश्नांखातीर सुचना आयल्यो. तातूतल्यान ३२४ प्रश्न सदस्यांनी ऑनलायन धाडल्यात. १८७ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी १७

तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ले १७० तारांकित आनी ५२१ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभागृहाच्या पटलाचेर दवरल्यो.

१०. फाटल्या अधिवेशनातले ३ तारांकित आनी ३ अतारांकित प्रश्न ह्या अधिवेशनान घेतले. फाटल्या अधिवेशनातले १ तारांकित आनी १ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडे धुकल्ले. ४ तारांकित आनी ६ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडे धुकल्ले.

११. ई-विधानसभा संकल्पना घेवन जाल्ले हें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन १०० टक्के कागदमुक्त करपाचो यत्न चालू आसा. ह्या अधिवेशनान ७५% सदस्यांनी ऑनलायन प्रश्न धाडले. सदस्यांनी ऑनलायन धाडिल्ल्या प्रश्नांचे संबंदीत खात्यांनी ऑनलायन जापो दिल्यो. ई-कामकाजाची सवय जावची म्हूण सदस्यां सयत गोवा सरकाराचे मुख्य सचिव, विविध खात्यांचे सचिव, विधीमंडळाचे सचिव आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांक खासा प्रशिक्षण दिले.

१२. सगळे प्रश्नांच्यो जापो तशेच विधानसभेच्या कामकाजांची जोड म्हायती विधानसभेच्या संकेतस्थळाचेर अपलोड केल्ल्या कारणान सामान्य मनश्यांक लेगीत ही म्हायती खंयच्या वेळार पळोवपाक मेळटा.

१३. माननीय सदस्यां कडल्यान ५ खाजगी प्रस्ताव आयले. सगळ्या प्रस्तावांचेर चर्चा जाली. तांतूतल्या ५ प्रस्तावांचेर योग्य आश्वासना नंतर सभागृहाची अनुमती घेवन ते फाटी घेतले.

१४. विनंती अर्ज समिती; गोवा सकसेशन, स्पेशल नोटरीस आनी इनवेन्टरी प्रोसिडिंग्स, विधेयक २०१२ ह्या चिकित्सा समितीचे; गोवा कमिशन फॉर मायनॉरिटीस विधेयक, २०१२ तशेच गोवा स्कुल एज्युकेशन (दुरूस्ती) विधेयक, २०१४ हांची चिकित्सा समिती आनी सीआरझेड रेग्युलेशनाचेर सभागृहाची समिती लेगीत पुनर्रचित केली.

१५. ६ सरकारी विधेयकां सभागृहामुखार मांडून, विचार करून संमत केली. हातूतल्यान एका विधेयकाक आयल्ली दुरूस्ती सभागृहा मुखार मांडून, चर्चा करून, मतदानाक घालून ती दुरूस्ती न्हयकारली.

१६. हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे नेते श्री. लक्ष्मीकांत पार्सेकर, विरोधी पक्ष नेते श्री. प्रतापसिंग राणे, आनी माननीय उप-सभापती श्री. अनंत शेट, हांचो खूब मोठो वाटो आसा म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे माननीय आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकांय धन्यवाद दिता.

१७. विधिमंडळाचे सचिव, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता. आय.टी खात्याचे खास करून आभार मानपाक जाय. तांच्या पुराय

सहकार्याक लागून आमी ई-ॲसेंब्ली पेपरलॅस संकल्पना फुडें व्हरू शकले. तांच्या सगळ्या अधिकाऱ्यांचे आनी कर्मचाऱ्यांचे आभार मानता.

१८. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले. ह्या तांच्या सहकार्याक लागून गोंयच्या तशेंच राष्ट्रीय स्थरावयल्या सगळ्या पत्रकारांक हांव धन्यवाद दिता.

१९. आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

२०. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

*****